**शीम वाठार संबंद मजबूत करपाखातीर गोंय आनी कर्नाटक राज्यपालांची बसका**

ता. 21 सप्टेंबर 2022

गोंय आनी कर्नाटक राज्यांमदले शीम वाठार संबंद अदीक मजबूत करपाच्या उद्‌देशान गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी कर्नाटकचे राज्यपाल श्री. थावरचंद गेहलोत हांणी दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयात हालीच दोनीय राज्यांच्या शीम वाठार जिल्ह्यांच्या जिल्हाधिकाऱ्यांची जोड बसका घेतली.

बसकेत उलयतना गोंयचे राज्यपाल श्री. पिल्लई हांणी दोनीय राज्यांच्या शीम वाठारांत बरे संबंद राखपावांगडाच दोनीय राज्यांतल्या लोकांमदी एकजूट मजबूत करपाचेर भर दिवपाची गरज उक्तायली. लोकशाय वेवस्थेत लोक सर्वोच्च आसात आनी त्या खातीर सामान्य लोकांच्या समस्यांचे निराकरण करपाक लोकहिताचे उपाय करपाक आंतरराज्यीय प्रशासकीय अधिकाऱ्यांमदी जावपी चर्चेक चड महत्त्व आसा.

म्हादय न्हंय तंट्याचो उल्लेख करून श्री. पिल्लई हांणी हो प्रस्न सोडोवपाक कायदेशीर वेवस्था अस्तित्वात आसा जी ही समस्या सोडयतली.

कर्नाटकचे राज्यपाल श्री. थावरचंद गेहलोत हांणी दोनीय राज्यातल्या घुंवळे वखदां तस्करीच्या समस्येचो उल्लेख करून घुंवळे वखदांची तस्करी बंद करपाखातीर दोनीय राज्यांनी उपाय करपाची गरज उक्तायली. घुंवळे वखदांच्या सेवनाक लागून अनेक लोकांचे संवसार उद्‌ध्वस्त जाल्ल्याचे तांणी सांगलें.

पर्यटन वेवसाय आनी आर्थिक वाडीखातीर राज्यांमदले संबंद मजबूत करपाचीय सूचोवणी तांणी केली. तशेंच तांणी घनरूप कोयराची समस्या सोडोवपाखातीर योग्य वेवस्थापन आनी साधनसुविधा उभारपाची गरज व्यक्त करून त्या खातीर दोनीय राज्यांनी फुडाकार घेवपाक सांगलें.

दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती ज्योती कुमारी हांणी कारवार आनी दक्षीण गोंयामदल्या आर्थिक, सामाजिक, भाषिक आनी सांस्कृतिक संबंदांची म्हायती दिली.

उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती मामू हागे हांणी गोंय-कर्नाटकामदल्या पर्यटन, संस्कृती, वैजकीय सुविधा, आर्थिक, शिक्षण आनी मनीसबळ संबंदांचो उल्लेख केलो.

बेळगावीचे उपायुक्त श्री. नितेश पाटील, पुलीस अधीक्षक डॉ. संजीव पाटील, कारवारचे उपायुक्त श्री. मुल्लाई मुहिलन, पुलीस अधीक्षक डॉ. सुमन पेणेकर, उत्तर गोंयचे पुलीस अधीक्षक श्री. शेखर प्रभुदेसाय, दक्षीण गोंयचे पुलीस अधीक्षक श्री. अभिषेक धानिया हांणी संबंधित जिल्ह्यांच्या साबार प्रस्नांचेर सादरीकरण केले.

बसकेक राज्यपालांचे सचिव श्री. मिहीर वर्धन आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/557

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji